आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 02/03/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

75

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गुजरात भेटी वेळार आयज जामनगर जिल्हयांतल्या रानवटी जनावरांची राखण आनी संवर्धन करपा खातीर विकसीत केल्या वंताराच्या वन्यजीव आदार आनी पुनर्वसन केंद्राक भेट दिली. वंतारा हें सुमार तीन हजार एकर वाठारांत पातळिल्लें आसा . प्रधानमंत्री मोदी सोमनाथ देवळांत पुजा आनी प्रार्थना केल्या उपरांत देवळाचें वेवस्थापन करपी श्री सोमनाथ ट्रस्टाचे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले . तशेच 27 कोटी रुपयां खर्चन बांदिल्ल्या हाट बाजार आनी खरेदी केंद्राचें ते उक्तावण करतले. उपरांत ते सासानातल्या गिर राष्ट्रीय उद्यानाक भेट दितले.

80

विकसीत भारत आतां सपन नाजाल्यार ते ध्येय आसा आनी हातूंत देशांतल्या तरणाट्यांचो म्हत्वाचो वांटो आसतलो अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी म्हटला. भारतीय विचार केंद्रान आयज तिरुवनंतपुरमांत आयोजीत केल्लें चवथें पी.परमेश्वर स्मारक व्याख्यानमाळेत ते उलयताले. भारत ही संवसारांतली एकोटी लोकशाय जी गांवगिर्या पावंडयार लेगीत संघटीत आसा अशें तांणी सांगलें. सध्या भारत संवसारांतली पांचवी व्हड अर्थवेवस्था आसा आनी बेगीनूच ती चवथी व्हड अर्थवेवस्था जातली अशें उपराष्ट्रपतीनी म्हळा. अभिव्यक्ती स्वातंत्र्या वांगडाच आमका संवाद आनी विचार ग्रहण करपाचेर लक्ष केंद्रीत करपाक जाय अशें तांणी सांगलें.

120

दोन मतदारांच्या फोटो वळखपत्रांक म्हळ्यार ईपीआयसीक  एकूच क्रमांक आसल्यार ती वळखपत्रां बनावट आसल्याचो प्रस्न उप्रासना अशें केंद्रीय वेंचणूक आयोगान स्पश्ट केलां. दोन वेगवेगळ्या राज्यांतल्या दोन मतदारांक एकूच ईपीआयसी क्रमांक दिल्लो अशें कांय माध्यमांनी प्रसारीत जाल्ल्या खबरां उपरांत आयोगान हें जाहीर केलां. एकूच ईपीआयसी क्रमांक आसलो तरी ह्या मतदारांचीं नांवां वेगवेगळ्या राज्यांनी, वेगवेगळ्या विधानसभा मतदारसंघांनी, वेगवेगळ्या मतदान केंद्रांनी नोंद जाल्यांत. मतदार खंयच्याय राज्यांत वा संघराज्यांत मतदार वळेरेंत नोंद जाला जाल्यार ताका फकत आपल्या मतदारसंघांत नियुक्त केल्या मतदान केंद्राचेरच मतदान करु शकता अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. हाचे भायर मतदाराक आपलें मत हेर खंयच दिवंक मेळाना. हाचे पयलीं मतदार नोंदणी प्रक्रिया विकेंद्रीत आशिल्ल्यान अशे क्रमांक दिल्ले आसूं येतात. पूण फुडाराक सगल्या पात्र मतदारांक एकूच ईपीआयसी क्रमांक मेळचो हे खातीर वेंचणूक आयोग वावुरता अशें आयोगान म्हणलां

45

देशातल्या 12 वेगवेगळ्या प्रकरणांत 29 घुवळे  वखदा तस्करांक न्यायालयान दोशी थारायला अशी म्हायती केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हाणी सोशल मिडिया पोस्टवरवी दिल्या. घुवळे वखदाचो दुरुपयेग देशांतल्या तरणाट्यांचें जिवीत इबाडत आशिल्ल्यान मोदी सरकार घुवळे वखदा वेपाऱ्यां आड खर कारवाय करपाक बांदिल  आसा अशें तांणी सांगलां.

60

राष्ट्रीय मानवी हक्क आयोग विदेश मंत्रालयाच्या जोडपालवन नवी दिल्लींत मानवी हक्कांचेर भारतीय तंत्रीक आनी अर्थीक सहकार कार्यकारी क्षमता निर्माण कार्यावळ घडोवन हाडटलो. ग्लोबल साउथच्या राष्ट्रीय मानवी हक्क संस्थांच्या वरिश्ठ पांवड्यावेल्या कार्यकर्त्यां खातीर  स दिसांचो ही कार्यवळ  फाल्यांसावन  सुरू जातली . मानवी हक्कांच्या वेगवेगळ्या आयामां विशीं, आंतरराष्ट्रीय नदरेक अंतर्दृष्टी दिवप आनी भागदारका मदीं जागृताय वाडोवपा हो हे कार्यावळीचो हेत आसा.

105

केंद्रीय गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी देशांत पुरवण साखळी घटमूट करपाक आनी अन्न सुरक्षा सुनिश्चीत करपाक केंद्रीय वखार म्हामंडळाची भुमिका उजवाडायली . नवी दिल्लींत केंद्रीय वखार म्हामंडळाच्या 69व्या स्थापणूकदिसाच्या कार्यावळीत ते उलयताले . 2023-24 वित्तीय वर्सा 21 लाख चौखण फूटां परस चड अन्न सांठोवपाची क्षमता निर्माण करून म्हामंडळान बरे काम केलां. दाळ, कापूस आनी भिकणा हांचे गोदाव, हाताळणी आनी येरादारीवरवीं प्रधानमंत्री गरीब कल्याण येवजण आनी प्रधानमंत्री अन्नदाता आय संरक्षण अभियानाची येसस्वी अंमलबजावणी करपाक म्हामंडळाची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें तांणी सांगलें. केंद्रीय गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण राज्यमंत्री बी. एल वर्मा आनी निमुबेन जयंतीभाय भांभनिया हेय ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

75

भारतांत फाटल्या दशकांत गरिबींत बरोच उणाव आयला अशें एका नव्या पेपरांत दिसून आयलां. मुखेल अर्थशास्त्रज्ञ सुरजीत एस भल्ला आनी करण भसीन हांणी उजवाडायल्ल्या ह्या पेपरांत 2022-23 आनी 2023-24 वर्साच्या घरगुती खर्चाचे आंकडे हालींच जाहीर केल्ल्यात . ह्या सर्वेक्षणांतल्यान मेळिल्ल्या आंकड्यांप्रमाण भारतांत गरिबीची पातळी बरीच उणी जाल्ल्याचें दिसून येता. देशांतली गरिबी सकयलया पातळेचेर देंवल्या असो दावो पेपरांत केला. ह्या अभ्यासा प्रमाण 2011-12 ते 2023-24 ह्या काळांत देशांतली असमानतायय नेटान उणी जाल्या अशें खर पुरावे मेळ्ळयात

75

भारतीय हवामान खात्यान कोंकण आनी गोंयांत उश्णतायेच्या ल्हराचो अदमास उक्तायला. तशेच दर्यादेगेवेल्या कर्नाटकात दीसभर उश्णताय ल्हारांची परिस्थिती चालू उरतली अशेंय सांगला. आयज लक्षद्वीपांतल्या काय वाठरनी पावस पडपाचो अदमास imdनन उक्तायला . आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, अरुणाचल प्रदेश, केरळ, माहे ह्या वाठारांनी आयज गडगड आनी वादळ वारें येवंक शकता. तशेंच वायव्य भारतात चडांत चड तापमान दोन ते तीन अंश सेल्सियस वाडटलें आनी उपरांत दोन ते तीन अंश सेल्सियस देंवतलें असो अदमास हवामान शास्त्रज्ञानी उक्तायला

30

भारताच्या आर प्रॅग्नानंद हाणे चेक रिपब्लीकांत जाल्या प्राग मास्टर्स बुध्दिबळ सर्तींत जर्मनीच्या व्हिन्सेंट केमराक हारावोन सेगीत दुसरे जैत जोडला . मजगतीं, भारताचो अरविंद चिथंबरम आनी अमेरिकेचो सॅम शंकलँड हांचे मदलो खेळ बादाबाद उरलो.

30

दुबयंत चालू आशिल्या आयसीसी दादल्यांच्या चॅम्पियन्स ट्रॉफीं सरतित न्यूझीलंडान कुरू बावलो जिखून गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतला .

भारतान __50________ षटकात _____9______ गडे व्हगडावोण ___249________धावडनयो केल्यात.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर नमस्कार